*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**पिसुर्ले उद्‌देगीक वसणूकेत रसायनीक आपत्तीचेर मॉकड्रिल कवायत जाली**

ता. 12 ऑक्टोबर 2019

पिसुर्ले उद्‌देगीक वसणूकेतल्या इस्टिम इंडस्ट्रिज प्रा. लि. कारखान्याच्या आवारांत आयज राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन पंगडाच्या मार्गदर्शनाखाला रसायनीक आपत्तीच्या वेळार घेवपाच्या उपायांविशीं मॉकड्रिल कवायत जातली. ह्या मॉकड्रिल कवायतीत पुलीस, उजो पालोवपी दळ, कारखाने आनी बाश्पक, वीज आनी भलायकी खाते आनी पिसुर्ले ग्रामपंचायती वाटो घेतिल्लो. राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन दळाच्या पंगडान 355 कंपनीचे कामगांर आनी पिसुर्ले गांवच्या नगरिकांक आपत्ती वेवस्थापन उपायांची प्रात्यक्षिकां करून दाखयली. रसायनीक आपत्तीच्या वेळार वेगवेगळ्यां यंत्रणांकडल्यान मेळपी प्रतिसाद आनी थळाव्या लोकांमदी आपत्ती वेळार उपाय घेवपाविशीं जागृती करपा खातीर ही कवायत आयोजीत केल्ली.

सत्तरीचे उपजिल्ल्याधिकारी श्री. मंगलदास गांवकर, अतिरिक्तजिल्ल्याधिकारी श्री. दशरथ रेडकर हांच्या देखरेखीखाला कवायत जाली.

सत्तरीचे मामलेदार श्री. अनिल राणे, म्हायती खात्याचे पालवी म्हायती अधिकारी श्री. शांतो नायक आनी हेर संबंदीत अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/695

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR, UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA